Panaji Regional 9th May 2025 7.25am

महेश 100

ऑपरेशन सिंदूराच्या वेळांवेले हवाई हल्ले व्हड गुप्ततायेन आनी कुशळटायेन केले , सरकार, पसराश्ट्र मंत्रालय आनी सशस्त्र दळ हांचेमदीं घटमुट समन्वय आशिल्लो. 7 तारखेक सुरक्षेच्या तयारी खातीर मॉक ड्रिल म्हणून जाहीर केल्ले हल्ले प्रत्यक्षांत खऱ्या हल्ल्याचें आवरण म्हणून काम करताले. हे कारवायेंत नेमके नियोजन, प्रगत प्लॅटफॉर्म आनी शस्त्रांचो उपेग, दुस्मानाच्या रडाराक दीका भूल करपाक वेगवेगळ्या वाठारांनी बनावट हल्ले करप हांचो आस्पाव आशिल्लो. प्रत्यक्ष हल्ल्यांत शिमो हुंपनासतना पल्ल्याच्या स्टॅंडऑफ शस्त्रांचो वापर केल्ल्यान हो हल्लो खूब प्रभावी थारलो. अचूकतायेत बालाकोटाकडेन तुळा करपासारकी पूण समन्वयाच्या वेगळ्या पांवड्यार हे कारवायेक लागून भारताची उण्यांत उण्या कमीत कमी शक्तीसयत घातक, लक्ष्यित हल्ले करपाची तांक दाखयली. ही विशी अधिक विस्तरान एअर व्हाइस मार्शल सुनील नानोडकर हाणी सांगले BYTE

गणेश 80

'ऑपरेशन सिंदूर' हो भारतान सिंदूर पुशील्ल्याचो घेतिल्लो बदलो अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. गोंयांत तशेंच देशांतल्या हेर वाठारांनीय मॉक ड्रिल प्रयोग येसस्वी जाल्ल्याचे मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें.पहलगामांत आतंकवाद्यांनी 27 जाणांक जीवेशी मारुन तांच्या बायलांक विधवा केलें. तांचें सिंदूर पुसलो. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला भारतान हाची जाप दिली आनी 9 सुवातींनी आतंकवाद्यांचेर हल्लो केलो. ऑपरेशन सिंदूर हें देश वा धर्मा आड नाशिल्लें. तो आतंकवादाच्या आड आशिल्लें. पाकिस्तानांत आतंकवादी तळ आशिल्ल्यान पाकिस्तान आतंकवाद्यांक पोसतात हें सिद जाला.

---

गणेश 100

अंदूचो सनातन राष्ट्र शंखनाद महोत्सव 17 मे ते 19 मे मजगतीं फोंड्या फर्मागुडयेर गोंय आभियांत्रिकी महाविद्यालयाच्या मैदानाचेर जातलो , अशी माहिती सनातन संस्थेचे प्रवक्ते चेतन राजहंस हांणी पणजेत जाल्ले पत्रकार परिशदेंत दिली. ह्या

वेळार आर्ट ऑफ लिव्हिंगचे संतोष घोडगे, सांस्कृतीक न्यासाचे जयंत मिरिंगकार, आंतरराष्ट्रीय बजरंग दळाचे नितीन फळदेसाय, कुंडई तपोभूमी पद्मनाभ संप्रदायाचे सुजन नायक, ब्राह्मण महासंघाचे राज शर्मा, जगद्गुरु स्वामी नरेंद्राचार्य महाराजांचे अनुयायी अनिल नायक आनी गोमंतक मंदिर महासंघाचे जयेश थळी हजर आशिल्ले.१७ ते १९ मे मजगतीं फार्मागुडी-फोंडें गोंय आभियांत्रिकी महाविद्यालयाच्या मैदानाचेर जावपी 'सनातन राष्ट्र शंखनाद महोत्सव' हो फक्त धर्मीक न्हय, तर आंतरराष्ट्रीय पांवड्यार आध्यात्मीक जागृतायेचो महोत्सव थारतलो.

रश्मि 80

प्रसार भारतीचो Waves हो Ott platform चालीक लागला. हो platform android तशेंच ios platform चेर उपलब्ध आसा अशी म्हायती ddg आकाशवाणी पणजीचे सुनील भाटीया हांणी पणजे घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार दील्या. सुमार 12 भाशांनी Waves वरवी वेगवेगळे मंच उपलब्धआसा. हांतुन हींदी,गुजराती,english,बंगाली,मरिठी,कन्नड,मल्याळम,

,तेलगु,तामीळ,गुजराती,पंजाबी, तशेंच आसामी ह्या भाशेंचो आसपाव आसा अशी म्हायती ddg आकाशवाणी पणजीचे सुनील भाटीया हांणी दील्या. ह्यावेळार पणजी दुरदर्शन केंद्राचे संचालक शशीन राय,तशेंच दुरदर्शनाचे कार्यावळ अधिकारी सावीयो नोरोन्हा हाजीर आशील्ले.

family entertainment की नई लहर अशी waves ह्या ott प्लेटफोर्माची संकल्पना जांवन आसा.

Weather – 40

गोय वेधशाळेनं उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चदान चड तापमान ३५ degrees celcius जाल्यार उण्यात उणे तापमान २७ degrees celcius आसतले. राज्यात उत्तर गोय आणि दक्षिण गोय जिल्ह्यांनी सांजवेळार काय सुवातींनी हलक्या ते मध्यम पावसाची शक्यता हवामान खात्यानं उक्तायल्या.